# समाज कल्याण खात्याच्या येवजण्यांचेर राज्यांत विशेश जागृताय मोहिम

ता. 6 मे 2025

समाज कल्याण खात्याच्या विविध येवजण्यांची लोकांमदी जागृताय करपा खातीर आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपूर्ण गोंय 2.0 उपक्रमा खाला राज्यांतल्या नगरपालिकां आनी ग्रामपंचायतींनी चालू मे म्हयन्यात सकयले प्रमाण विशेश जागृताय मोहिमेचे आयोजन केला.

12 मे 2025 दिसा तोरशे ग्रामपंचायत, 13 मे कासरवर्णे ग्रामपंचायत, 16 मे वाळपय, म्हापशें, फोंडा, केपे, मडगांव, मुरगांव नगरपालिका आनी पणजी म्हापालिका, 17 मे मावशी, उसकय-पालये-पुनोळा, वाडी तळावली, खोतिगांव, नाकेरी-बेतूल, भाटी, कुडका-बांबोळी-तळावली, वेळसांव पाळे ग्रामपंचायत आनी कुंकळ्ळी नगरपालिका, 20 मे मोरजी ग्रामपंचायत, 24 मे म्हापशें, फोंडा, कुडचडे-काकोडा, साखळी, मडगांव, मुरगांव नगरपालिका आनी पणजी म्हापालिका, 27 मे मांद्रे ग्रामपंचायत, 31 मे गुळेली, मयडे, पंचवाडी, श्रीस्थळ, असोल्डा, कुर्डी, धारबांदोडा, अडवलपाल, ओल्ड गोवा, कारमोणा आनी चिकोळणा-बागमाळो ग्रामपंचायतीत जागृताय मोहिम आयोजीत केल्या.

थळावे नागरिक, जेश्ठ नागरिक, दिव्यांग व्यक्ती, एससी/एसटी/ओबीसी समाजातले नागरिक आनी मागास वर्गातले नागरिक, विद्यार्थी, नगरसेवक, जिल्हा पंचायत सदस्य, सरपंच आनी पंच सदस्यांनी आपल्या संबंदीत म्हापालिका, नगरपालिका आनी ग्रामपंचायतीत आयोजीत जागृताय कार्यक्रमाक उपस्थित रावपाची विनंती समाज कल्याण खात्यान केल्या.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/443

--
---------------------------------------------------------------------------------------------


Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.